# NATIONAL NEWS ON 12TH DEC 2025 6.30 PM

राष्ट्रपती

द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज मणिपूरच्या सेनापती जिल्ह्यांत भेट दिवन स वेगवेल्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केलें. तशेंच जिल्ह्या खातीर आनीक पांच उदरगत प्रकल्पांचोय बुन्यादी फातर घालो. तातुत चलयो आनी चले वसतीघर, पुलीस आनी भौशीक सुरक्षीतताय, भलायकी, समाज आनी आदिवासी, शिक्षण आनी हेर वेगवेगळया मालावेल्या प्रकल्पचो आस्पाव आसा .

तशेंच ताणी खासा असुरक्षित आदिवासी गट (पीव्हीटीजी) वर्गांतल्या मणिपूरांतली एकमेव जमाती आशिल्ल्या मरम जमातीच्या फुडाऱ्याकयची भेट घेतली आनी ताचे वांगडा संवाद सादलो.'पीएम जनमन' च्या काळांत आदिवासी समाजाच्या उदरगती खातीर, खास करून पीव्हीटीजींच्या उदरगती खातीर जायते उपक्रम सुरू केल्यात, जाका लागून पीव्हीटीजींचें जिवीत आनीक सुदारतले अशें अध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू हांणी मेळाव्याक संबोधीत करताना सांगले . मणिपूरच्या आदिवासींक स्वाभिमान, सुरक्षा आनी उदरगतीच्यो संदी सुनिश्चीत करप आनी देशाचे प्रगतींत तांचो चड वांटो घेवप हें राष्ट्रीय प्राधान्य आसा अशें ताणी मुखार सांगलें.

मणिपूराची तांक ताच्या विविधताय, संस्कृताय, भास आनी परंपरेंत आसा. मणिपूरांत रावपी सगळ्या समाजांनी शांतताय आनी समरसताये खातीर एकामेकांक आदार दित रावपाचो उलो मारलो भारत सरकारान मणिपूरच्या लोकांची आकांक्षा मान्य केल्या आनी राज्याची शांतताय आनी समृध्दी खातीर वावुरचें अशें सगळयांक आवाहन केलां अशें अध्यक्षान सांगलें.

वेंचणूक आयोगा

अस्तंत बंगाल, तमिळनाडू, उत्तर प्रदेश आनी केरळ सयत आठ मुखेल राज्यांतल्या वेंचणूक नोंदींच्या खाशेल्या सघन सुदारणा (एसआयआर)चेर नियंत्रण दवरपा खातीर वेंचणूक आयोगान खाशेले रोल निरिक्षक (एसआरओ) नेमल्यात. एसआरओ हांणी आपलें काम सुरू केलां आनी फेब्रुवारी 2026 वर्सा निमाणी वेंचणुकेची वळेरी उजवाडावचे मेरेन सप्तकांतले दोन दीस ह्या राज्यांनी हाजीर रावपाची आस्त आसा अशें वेंचणूक आयोगान सांगलें.

## शिवराज सिंग चौहान

केंद्रीय मंत्रीमंडळान 2027 वर्साचे जनगणने खातीर ₹11,718 कोटी अर्थसंकल्प मान्य केलां.2027 वर्साची जनगणना दोन फाटल्या धा वर्सांत देशांतलें पिकाचें उत्पादन 44 टक्क्यांनी वाडलां अशें सरकारान सांगलां.आयज राज्यसभेंत प्रस्न वराक  पूरक प्रस्नांक जाप दितना केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलें, 2014 ते 2024 ह्या काळांत नव्या बियाणांचो जाती, आधुनीक तंत्रगिन्यान आनी सुदारीत शेती पद्दतींचो वापर हाका लागून हें शक्य जालां.

मोदी सरकार शेतकारांचें उत्पन्न वाडोवपाचेर आनी एकंदर शेतकी उदरगतीक चालना दिवपाचेर लक्ष केंद्रीत करता अशें श्री चौहान हांणी सांगलें. शेतकी उत्पादन वाडोवपा खातीर स मुद्द्यांचें धोरण चालीक लावपाचें काम सुरू आसा.सरकार शेतकारांक 2 लाख कोटी रुपयांची सारें अनुदान दिता आनी प्रधानमंत्री किसान सम्मान निधी खाला 4 लाख कोटी परस चड पयशे थेट शेतकारांच्या खात्यांत हस्तांतरीत जाल्यात अशें मंत्रीमंडळान भर दिलो., प्रधानमंत्री फसल बीमा येवजणे खाला शेतकारांच्या खात्यांत एक लाख 90 हजार कोटी रुपया लुकसाण भरपाय जमा केल्या अशे ताणी फुडें सांगलें

## जनगणना

केंद्रीय मंत्रीमंडळान 2027 वर्साचे जनगणने खातीर ₹11,718 कोटी अर्थसंकल्प मान्यताय दिलां.2027 वर्साची जनगणना दोन टप्प्यांनी जातली अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आयज नवी दिल्लींत पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें. ही देशांतली सोळावी जनगणना आसतली आनी स्वातंत्र्या उपरांत 8वी जातली. भारताची जनगणना ही संवसारांतली सगळयांत व्हडली प्रशासकीय आनी सांख्यिकी व्यायाम अशें श्री वैष्णव हांणी सांगलें. जातीय जनगणनाय जातली. श्री वैष्णव हांणी सांगलें की ही पयली डिजिटल जनगणना आसतली, जातूंत एंड्रॉयड आनी आयओएस दोनूय मोबायल ऍप्लिकेशनां वापरून डेटा एकठांय करप जातलें. जनगणनेच्या वावराक 30 लाख कर्मचारी नेमतले अशें श्री वैष्णव हांणी सांगलें.

## शिवराज पाटील

काँग्रेसीचो वरिश्ठ फुडारी आनी आदलो केंद्रीय घरमंत्री शिवराज पाटील हांचे आयज लातूरांत निधन जालो. ताची पिराय 91 वर्सां आशिल्ली. श्री पाटीलान आयज सकाळीं 6:30 वरांचेर आपल्या निवासस्थानी निमाणो स्वास घेतलो. आपल्या लांब राजकी कारकिर्दींत श्री पाटील हांणी लोकसभेचे अध्यक्ष आनी केंद्र सरकारांतले जायते म्हत्वाचे पदां सयत जायतीं म्हत्वाचीं पदां सांबाळळीं. लातूर मतदारसंघांतल्यान ताका सात फावट लोकसभेंत वेंचून आयिल्लो.मजगती राष्ट्राध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, आनी लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी आदलो केंद्रीय मंत्री शिवराज पाटील हांच्या निधनाचेर दुख्ख उक्तायलें.

गोंयांतले नाईट क्लबाचे धनी सौरभ लुथरा आनी गौरव लुथरा उज्यां संबंदींच्या प्रकरणांत बँकॉकांतल्या भारतीय दूतावास थायलंडाच्या अधिकाऱ्यां कडेन लागींच्यान संपर्कांत आसा. फाटल्या सप्तकांत उज्यांच्या घड्नुकेत 25 जाणांक मरण आयलें. दूतावासान हस्तक्षेप केल्या उपरांत थायलंडाच्या अधिकाऱ्यांनी फुकेतांतल्यान ह्या जोडयेक ताब्यांत घेतिल्ल्याचें सूत्रांनी सांगलें. तशेंच थायलंडाचे अधिकारी सध्या थळाव्या कायद्या प्रमाण कारवाय करतात, आनी दोगांयक परतून भारतांत हाडपाखातीर यत्न सुरु आसात अशें सूत्रांनी सांगलें.